**<u>इलेक्ट्रिक गाडयांच्या वापराक लागून धूंवराच्या प्रदुशणाचेर नियंत्रण दवरपाक मजत जातली</u>**

**<u>मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं दोनापावला हांगा इलेक्ट्रिक बायक्स शोरूमाचे उकतावण</u>**

ता. 16 ऑक्टोबर 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दोनापावला हांगा बेन्लिंग ऑरा इलेक्ट्रिक स्कूटर शोरूमाचे काल उकतावण केले. गोंय मनरीजवण संस्थेचे उपाध्यक्ष श्री. सुभाष फळदेसाय. श्री. चेतन देसाय, नेत्रावळी पंचायतीच्यो आदल्यो सरपंच श्रीमती रजनी गांवकार आनी हेर मानेस्त उकतावण कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान इलेक्ट्रिक वाहनांच्या वापराक लागून धूंवराच्या प्रदुशणाचेर नियंत्रण दवरपाक मजत जातली म्हणपाचे सांगून राज्यांत इलेक्ट्रिक बायक्स शोरूम सुरू केल्ले खातीर डीएसपी इलेक्ट्रिक शोरूम मालकाचे अभिनंदन केले.

सरकारान तरणाट्यांक आपरोजगारा खातीर प्रोत्साहन दिवपाक अनेक येवजणो सुरू केल्ल्याचे सांगून तरणाट्यांनी अशां येवजणांचो लाव घेवन आपरोजगार सुरू करचो आनी आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय मोहिम यशस्वी करपाक योगदान दिवचे, अशें सांगले. आता मेरेन 80 खात्यांचो आसपाव आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय मोहिमे खाला करून 27 येवजणो चालीक लायल्या, अशेंय मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार सांगले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं इलेक्ट्रिक स्कुटर खरेदी केल्ल्या पयल्या गिरायकांक स्कुटरीच्यो चाव्यों भेटयल्यो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/572

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji